**<u>कुडचडेच्या रवींद्र भवनावतीन सांगे आनी केपे तालुका पांवड्याचेर गीत गायन सर्त</u>**

ता. 2 नोव्हेंबर 2021

कुडचडेच्या रवींद्र भवनान 28 नोव्हेंबर 2021 दिसा सांगे आनी केपे तालुका मर्यादीत गीत गायन सर्तीचे आयोजन केला. ही सर्त 7 ते 18 वर्सां (ज्युनियर गट) आनी 18 वर्सां (सिनियर गट) वयल्या पिराय गटात आयोजीत करपात येतली. ही सर्त कोंकणी, मराठी आनी हिंदी अशा तीन गटात जातली. सर्तकाक फकत एकाच गटात वाटो घेवपाक मेळटलो.

दोनीय पिराय गटांखातीर पयले इनाम 5 हजार रूपयां, दुसरे इनाम 3 हजार रूपयां आनी तिसरे इनाम 2 हजार रूपयां आनी प्रशस्तीपत्र तशेंच 1 हजार रूपयांची दोन उमेद वाडोवपी इनामां भेटोवपात येतली.

सर्तीची निवड चाचणी 14 नोव्हेंबर दिसा सकाळी 10.00 वरांसावन रवींद्र भवनात जातली. तसेंच निवड जाल्ल्या सर्तकांची 27 नोव्हेंबराक सकाळी 10.00 वरां सावन तालीम जातली.

सर्तीचे अर्ज कुडचडेच्या रवींद्र भवनाच्या कार्यालयांत उपलब्ध आसून पुराय भरिल्ले अर्ज 8 नोव्हेंबर सांजेच्या 5.00 वरांमेरेन स्विकारतले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/916

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji